**राज्यातल्या सैमिक उदकास्रोतांचे संरक्षण आनी संवर्धन करपाची गरज-मुख्यमंत्री**

ता. 19 सप्टेंबर 2025

गोंयची खरी सोबितकाय हांगाची सैमिक उदकास्रोतां, रूखावळ आनी समृद्ध जैवविविधतायेत आसा आनी म्हणून राज्यातल्या सैमिक उदकास्रोतांचे संरक्षण आनी संवर्धन करपा खातीर गंभीरतायेन प्रयत्न करप ही काळाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यान पणजी जिमखाना हांगा आयोजीत केल्ल्या 'मिशन सरोवर पुर्ननिर्माण: गोंयच्या तळ्यांची पुर्नकल्पना' ह्या विशया वयल्या परिशदेच्या उक्तावण सत्रात उलयतना सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी जलसंवर्धनाचे म्हत्त्व व्यक्त करून राज्यातल्या सैमिक तळ्यांचें पुनरुज्जीवन करपा खातीर सरकारान गंभीरतायेन उपाय येवजण्यो सुरू केल्यात अशें सांगलें. गोंय राज्य विकसित भारत-2047 आनी विकसित गोंय 2037 चे उद्दिश्ट साध्य करपाच्या दिकेन नेटान पावलां मारता आसतना पर्यावरण आनी सैमिक उदका संपत्तीचो सांबाळ करपाक प्राधान्य दिता, अशेंय तांणी सांगलें.

राज्यांतल्या सैमिक तळ्यांचो सांबाळ करपाच्या वावरात पंचायत संस्था, सामान्य नागरिक आनी खास करून विद्यार्थी वर्गान सक्रियपणान वाटो घेवपाचो उलो मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार मारलो. जमनीतल्या उदकाच्या पातळीत जावपी घट आनी विवीध कारणांक लागून जावपी उदकाच्या प्रदूशणा बाबतीत हुस्को व्यक्त करून लोक तळीं, न्हंयों आनी हेर उदका सत्रोतांनी कोयर, प्लास्टिक उडोवन आपली बेजापसालदारकी दाखयतात आनी अशा बेजापसालदारकीक लागून भविश्यात आमकां गंभीर पर्यावरणीय समस्यांक तोंड दिवचे पडटले, अशें तांणी सांगलें.

राज्यांतल्या विवीध तळ्यांचें पुनरुज्जीवन आनी सौंदर्यीकरण करपा खातीर सरकारान 39 तळ्यांची निवड केल्या. भाभा अणु संशोधन केंद्राचे आदले शास्त्रज्ञ, पद्मश्री पुरस्कार जैतिवंत डॉ. शरद काळे हांच्या मार्गदर्शनाखाला ह्या परिशदेचे आयोजन केल्ले. गोंयच्या सैमिक तळ्यांचें पुनरीज्जीवन करपाक आराखडो येवजण तयार करप हो परिशदेचो उद्देश आसा. ह्या परिशदेच्या चर्चासत्राक विद्यार्थी वर्ग मोठ्या संख्येन हाजीर आशिल्लो.

डॉ. शरद काळे हांणी आपल्या भाशणात जलसंपत्तीचे संवर्धन आनी अभ्यास ह्या विशयाचेर विचार मांडटना सैमिक तळ्यांचें संवर्धन करपाच्या वावरात विद्यार्थ्यांनी सहभागी जावपाक सांगलें.

जलसंवर्धना वयल्या राष्ट्रीय तज्ज्ञ डॉ. उदित भाटिया, डॉ. रघु मुर्तुगुड्डे, डॉ. मोहित प्रकाश मोहंती आनी डॉ. सुकदेव पाल हांणी विचार मांडले.

ह्या वेळार पर्यावरण सचीव श्री. अरुण कुमार मिश्रा, गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाचे अध्यक्ष डॉ. लेव्हिन्सन मार्टिन्स हांचेय उलवप जालें.

मंडळाच्यो वांगडी सचीव डॉ. गीता नागवेकर, जलसंपदा खात्याचे मुख्य अभियंता श्री. ज्ञानेश्वर सालेलकर, पर्यावरण खात्याचे संचालक श्री. सचिन देसाई आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/765

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.